**<u>राज्यपालाकडल्यान ईद ई मिलाद निमतान परबीं</u>**

ता. 15 सप्टेंबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लिम भाव-भयणांक महम्मद पैगम्बराच्या जल्म दिसा मनोवपात येवपी ईद ई मिलाद सणाच्या शुभ प्रसंगार मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, महम्मद पैगम्बर हे सदगूण, सत्य आनी निसुवार्थ सेवेचे प्रतिक जावन आसा, जांणी शांतीकाय, भावपण आनी दया अशा आदर्श मुल्यांची शिकवण दिली. आमच्या जीणेत ह्या आदर्श मुल्यांक व्हड म्हत्व आसा. खुशालकायेची आनी हितकारक जीण जगपा खातीर आयज मनशान महम्मद पैगम्बराच्या शिकवणीचे आचरण करपाक जाय.

ईद ई मिलाद वा मिलाद ऊन नबीच्या ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी महम्मद पैगम्बरान शिकयिल्ल्या आदर्श मुल्यांचो प्रसार करपाक स्वता पुर्नसमर्पित जावया आनी समाजाच्या भरभराटी खातीर आनी देशांत शांतीकाय आनी सलोखो वाडोवपा खातीर काम करूया.

हो उमेदीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत अदीक शांतीकाय आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/483

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.